Panaji National 6th April 2026 8.40am

विधानसभा वेंचणुka खातीरचो प्रचार तेंगशेर पावला. मतदारांक आकर्शित करपा खातीर मुखेल फुडारी राज्यांक भेटी दितात.

देशभरांत पेट्रोल, डिझेल, आनी एलपीजीची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सरकार सगळे यत्न करता; नागरिकांक एलपीजी सिलिंडर बुक करपा खातीर डिजिटल माध्यमांचो वापर करपाचो सल्लो दिला.

परराश्ट्र मंत्री एस.जयशंकर हांणी काल इराण आनी संयुक्त अरब अमीराताच्या परराश्ट्र मंत्र्यां कडेन आनी कतारचे प्रधान मंत्र्यां कडेन दूरध्वनीवेल्यान संवाद साधलो.

भारतीय ध्वज आशिल्लो एलपीजी टँकर *ग्रीन आशा*न इराणा लागसारच्या होरमुझ सामुद्रधुनीं यशस्वीरित्या पार केल्या.

होर्मुझ सामुद्रधुनी फाल्या मेरेन सागरी येरादारी खातीर उक्ती केली ना जाल्यार इराणाच्या वीज प्रकल्पांचेर आनी पुलांचेर हल्लो करतले अशी शिटकावणी अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी दिल्या.

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून चेन्नई सुपर किंग्साक 43 धांवड्यांनी हारयलो.

WB Elections – 130
चार राज्यां आनी एका केंद्रशासित प्रदेशांतल्या विधानसभा वेंचणुकांचो प्रचार सध्या तेंगशेर पावला. मतदारांक आकर्शित करपा खातीर मुखेल फुडारी राज्यांक भेटी दितात.
भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल उत्तर बंगालांतल्या कूचबिहार जिल्हयांत एका व्हड जाहीर सभेत उलोवप केलें. प्रधानमंत्री मोदी यांनी

सत्ताधारी तृणमूल काँग्रेस सरकाराचेर टीका करताना, राज्यातलो कायदा आणि सुव्यवस्थेचा अभाव तसेच गैरकारभाराचे मुद्दे अधोरेखित केले.
प्रधानमंत्र्यांनी राज्यांतल्या लोकांक आश्वासन दिलें की, जर भाजप सत्तेर आयलो तर सरकार विकास सुनिश्चित करतलें आनी घुसखोरांक भायर धावडायतलें.
२०२९ च्या लोकसभा वेंचणुकां सावन 'महिला आरक्षण कायदा' लागू करपाची प्रक्रिया मुखार व्हरपा खातीर सरकारान ह्या म्हयन्याच्या १६, १७ आनी १८ तारखेर संसदेचें खाशेले अधिवेशन आपयला, अशें मोदी हाणी सांगलें.
मजगतीं, तृणमूल काँग्रेसीच्यो मुखेली आनी राज्याची मुख्यमंत्री ममता बॅनर्जी हांणी काल अस्तंत बंगालांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी भौशीक बसकांनी उलोवप केलें.
Kerala – 60
केरळांत एर्नाकुलम जिल्ह्यांतल्या कुन्नाथुनाड मतदारसंघांत भाजपाचो वरिश्ठ फुडारी अमित शाह हाणी भौशीक बसकेंत उलोवप केलें. येता त्या केरळ विधानसभा वेंचणूक फकत सरकार बदलपा खातीर न्हय, तर राज्याचो फुडार सुदारपा खातीर आसा अशें शाह हाणी सांगलें. २०१४ च्या लोकसभा वेंचणुकां सावन राज्यांत एनडीए-च्या (NDA) मतांची टक्केवारी वाढल्या आनी आतां राज्यांत भाजपच्या फुडारपणा खालच्या आघाडीचें सरकार येवपाची वेळ आयल्या, अशें ताणीं नमूद केलें.
Puducherry – 30
पुद्दुचेरीत विधानसभा वेंचणुकेचो प्रचार मंगळारा सोपता देखून राजकीय पक्षांनी आपली पुराय शक्ती पणाक लायल्या. या केंद्रशासित प्रदेशांतल्या ३० वांगड्यांच्या विधानसभे खातीर बिरेस्तारा मतदान जातलें. मुखेल राजकी पक्षांचे फुडारी भौशीक बसका आनी रॅली घेतात.
EC – 65
वेग वेगळ्या राज्यांनी जावपा आशिल्ल्या विधानसभा वेंचणुको आनी पोट-वेणुकांच्या पयलीं रोक रक्कम, सोरो, अंमली पदार्थ आनी हेर अमिषां संबंदीत जप्तीचो आंकडो ६५० कोटी रुपयां परस वयर गेला अशें वेंचणूक आयोगान सांगलें. वेंचणूक आयोगाने नमूद केले की, राज्यांच्या आकडेवारी प्रमाण सगळ्यांत चड जप्ती अस्तंत बंगालांत 319 कोटी रुपया, उपरांत तमिळनाडूंत 170 कोटी रुपया, आसामत 97 कोटी रुपया, केरळ 58 कोटी रुपयाआनी पुडुचेरींत 7 कोटी रुपया जप्त जाल्यात.

Govt. West Asia – 160
देशभरांत पेट्रोल, डिझेल आनी एलपीजीची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपा खातीर सरकार सगळे यत्न करता. एलपीजी सिलिंडर बुक करपा खातीर डिजिटल मोड वापरचो आनी सामके गरजेचे असल्याशिवाय एलपीजी वितरकांकडे वचप टाळपाचो सल्लो नागरिकांक दिला. पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान दिल्ल्या म्हायती प्रमाण, वितरक थराचेर जावपी अफरातफर आडावपा खातीर 'डिलिव्हरी ऑथेंटिकेशन कोड' (DAC) आधारित एलपीजी वितरणाचें प्रमाण फेब्रुवारी २०२६ आशिल्ल्या ५३ टक्क्यां वयल्यान शेनवारा ९० टक्क्यां वयर पावलां. शेनवरा ९० हजारां परस चड ५ किल वजनाचे FTL सिलिंडर विकल्यात अशें मंत्रालयान सांगलां.5 किलो एफटीएल सिलिंडर लागसारच्या एलपीजी वितरक केंद्रांनी उपलब्ध आसात आनी खंयचेय वैध ID पुरावे दाखोवन आनी पत्तो पुरावो नासतना खरेदी करूं येतात. मार्च २०२६ सावन सुमार ३.६ लाख पीएनजी (PNG) कनेक्शन्स कार्यान्वित जाल्यांत. तशेंच, नव्या कनेक्शनां खातीर ३.९ लाखां परस चड गिरायकांनी नोंदणी केल्या.
बंदरां, जहाज येरादारी आनी जलमार्ग मंत्रालयान सांगलें, सगळे भारतीय खलाशी सुरक्षित आसात आनी फाटल्या २४ वरांत भारतीय ध्वज आशिल्ल्या जहाजांच्या संदर्भांत कसलीच घडणूक घडूंक ना. देशभरच्या बंदरांचे कामकाज सुरळीत चालू आसा अशें मंत्रालयान मुखार सांगलें.
Jaishankar – 85
परराष्ट्र मंत्री एस. जयशंकर हाणी काल इराणचे परराष्ट्र मंत्री अब्बास अराघची आनी कतारचे प्रधानमंत्री शेख मोहम्मद बिन अब्दुल रहमान बिन जसीम अल थानी हांचे कडेन चर्चा केली. अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाक लागून निर्माण झालेल्या परिस्थितीचेर तांणी भासाभास केली.
तशेंच डॉ जयशंकर हांणी संयुक्त अरब अमिरातीचे परराष्ट्र मंत्री शेख अब्दुल्ला बिन झायेद अल नाहयान हांचे कडेन दूरध्वनीवेल्यान संवाद साधलो. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणाक परत एकदा धमकी दिल्या उपरांत ह्या वाठारांत तणाव वाडिल्ल्या फाटभुंयेर, डॉ जयशंकर हांणी अस्तंत आशियांतल्या तीन देशांच्या फुडाऱ्यां कडेन दूरध्वनीवेल्यान संवाद सादलो.

Green Asha – 30

भारतीय ध्वज आशिल्लो एलपीजी टँकर *ग्रीन आशा*न इराणा लागसारच्या होरमुझ सामुद्रधुनीं यशस्वीरित्या पार केल्या. सध्या सुरू आशिल्ल्या संघर्षाच्या फाटभुयेर, या सामक्या महत्त्वाच्या मार्गावेल्यान सुरक्षितपानांन प्रवास करपी हे णववें भारतीय जहाज.

Air India – 30

अस्तंत आशियांत चालू आशिल्ल्या झुजा मदीं एअर इंडियान इझ्राएलाक वचपाची विमान सेवा स्थगीत केल्या. एअर इंडियाच्या एका अधिकाऱ्यान सांगलें, विमान कंपनीन नवी दिल्ली-तेल अवीव मार्गाचेर 31 मे मेरेन विमान सेवा स्थगीत केल्या.

Trump – 85

होर्मुझ सामुद्रधुनी फाल्या मेरेन सागरी येरादारी खातीर उक्ती केली ना जाल्यार इराणाच्या वीज प्रकल्पांचेर आनी पुलांचेर हल्लो करतले अशी शिटकावणी अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी दिल्या.

जर हो जलमार्ग उकतो जालो ना, तर इराणची परिस्थिती 'नरका' सारकी जातली अशें काल सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हाणीं म्हळां. पूण तेहराना बरोबर समजिकाय जावपाची "प्रबल शक्यता" आसा अशें अमेरिकेच्या प्रसारमाध्यमांक ट्रम्प हाणी सांगलें. इराणान म्हत्वाच्या होर्मुझ सामुद्रधुनींतल्यान सामान्य येरादारी थांबयल्या, जाका लागून संवसारीक पांवड्यार तेलाचे दर सामके वाडल्यात आनी जगभरात महार्गाय वाडपाची भिरांत निर्माण जाल्या.

Jan Vishwas – 70

जन विश्वास (तरतुदी दुरुस्ती) विधेयक, 2026 खाला 23 मंत्रालयांच्या प्रशासनाखालच्या 79 केंद्रीय कायद्यांत दुरुस्ती प्रस्तावीत केल्यात, जातूंत वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या वट्ट 784 तरतुदींचो आस्पाव आसा. हे विधेयक किरकोळ प्रक्रियात्मक त्रुटींखातीर आशिल्ल्या फौजदारी शिक्षा रद्द करता आणि त्याऐवजी सिविल दंड किंवा एडमिनिस्ट्रेटिव सिस्टम लागू करता.

IMD – 60

भारतीय हवामान खात्यान आज अरुणाचल प्रदेश, दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, केरळ, माहे, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर काय सुवातींनी heavy पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण बिहार, झारखंड आनी

अस्तंत राजस्थानांत काय सुवातींनी कऱ्यांच्या पावसा वांगडा गडगड येवपाची शक्यताय आसा.

IPL – 125

आयपीएल टी-20 क्रिकेट सर्तींत काल रातीं रॉयल चॅलेंजर्स बेंगळुरून चेन्नई सुपर किंग्साक 43 धांवड्यांनी हारयलो. बेंगळुरूतल्या एम.चिन्नास्वामी स्टेडियमाचेर जाल्ल्या खेळांत बेंगळुरून चेन्नय पंगडाक 251 धांवड्यांचें लक्ष्य दिल्लें. ताका जाप दितना चेन्नयचो पंगड फक्त 207 धांवड्यो करून ऑल आउट जालो.

काल जाल्ल्या पयल्या खेळांत, हैदराबादात लखनऊ सुपर जायंट्सान सनरायझर्स हैदराबादचेर पांच गड्यांनी जैत मेळयलें. सनरायझर्स हैदराबादान दिल्ल्या १५७ धांवड्यांचें लक्ष्य लखनऊ पंगडान १९.५ ओव्हरींनी पुराय केलें.

आयज कोलकातातल्या ईडन गार्डन्सांत कोलकाता नाइट रायडर्स आनी पंजाब किंग्स मदि मॅच जातली. हो खेळ सांजवेळा 7:30 वरांचेर सुरु जातलो.